# त्रिपुरारी पुनव नौकानयन सर्तीचो निकाल जाहिर

ता. 26 नोव्हेंबर 2018
5 मार्गशीर्ष 1940

त्रिपुरारी पुनवेच्या उत्सवानिमतान विठ्ठलापूर साखळी हांगा वाळवंटी न्हंयत कला आनी संस्कृती संचालनालयान पर्यटन खाते, गोंय पर्यटन विकास महामंडळ, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते आनी दिपावली उत्सव समिती विठ्ठलापूर हांच्या सहकार्यान आयोजित केल्ल्या राज्य पातळीवयल्या नौकानयन सर्तीचो निकाल जाहिर केला. वाळंवटी न्हंयच्या पात्रात जावपी नौकानयन सर्त हो त्रिपुरारी पुनव उत्सवाचे मुख्य आकर्शण आसता. हया वर्सा राज्याच्या वेगवेगळया भागातल्यान 32 बोटी सर्तीत सहभागी जाल्ल्यो. सुमार धा हजार प्रेक्षकांनी हया पारंपारिक उत्सव आनी सर्तीचो आनंद घेतलो.

गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. प्रमोद सावंत, आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नायक, कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे, राज्यसभा खासदार श्री. विनय तेंडुलकर, आमदार श्री. प्रतापसिंह राणे, थळावे सरपंच आनी वेगवेगळया खात्याचे अधिकारी उत्सवाच्या कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

लोकप्रिय चित्रपट कलाकार श्री. मिलिंद गुणाजी हे उत्सवाक खास निमंत्रित सोयरे म्हुण हजर आशिल्ले.

श्री. महेंद्र चोडणकर, श्री. संदीप गोवेकर आनी श्री. केदार धोंडू हया कला महाविद्यालयाच्या प्राध्यापकांनी नौकानयन सर्तीचे परिक्षण केले.

कला आनी संस्कृती खात्यान जाहिर केल्ल्या सर्तीच्या निकालाप्रमाण सर्तीचे पयले रू. 35,000/- चे इनाम व्हेंचर ब्रदर्स माजीकवाडा, पर्ये, दुसरे रू. 30,000/- कलयुगी ग्रुप विठ्ठलापूर साखळी, तिसरे रू. 25,000/- चे नवयुवक संघटना सावईवेरें , चौथे रू. 20,000/- चे एन.सी.बॉयस् विठ्ठलापूर साखळी आनी पाचवे रू. 15,000/- चे राणेवाडा पर्ये हांका फावो जाला. एस.टी.के.पी. बॉयस् विठ्ठलापूर, ग्लोव्हिंग स्टार पर्ये बेलवाडा, तळखांबेश्वर बॉयस् तामीडगीवाडा पर्ये, लालबाग रॉयल विठ्ठलापूर, फ्रँडस् युवा मंच प्रतापनगर हरवळे हांका प्रत्येक रू. 8000/- चे उमेद वाडोवपी इनाम फावो जाला.

ट्रि पीन बॉयस् तामीडगीवाडा, वाग्रेश्वर बॉयस् वरचावाडा, महायोगी नारायणनगर, भुमिका बॉयस् सावंतवाडा, डॅव्हील विठ्ठलापूर, जय भवानी राणेवाडा, चंद्रेश्वर बॉयस् माजीकवाडा, ब्रदर फॉरेवर खांडोळा, तळेश्वर युवक संघ माजीकवाडा, थर्ड आय सावंतवाडा

हांका प्रत्येकी रू. 5000/- चे मानधन फावो जाला. उरिल्ल्या सगळया सर्तींतल्या सहभागी स्पर्धकांक प्रत्येकी रू. 2000/- भेटयतले.

सर्तीच्या इनामा भेटोवपाच्या कार्यक्रमाची तारीख आनी थळ उपरांत कळयतले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1764